२०-०२-२०२६

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

मुखेलमंत्री AI impact

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्लीत आयोजीत AI impact शिखर परीशदेक भेट दिवन आनी अत्याधुनीक एआय नवनिर्माणांच्या यंत्रणेचो नियाळ घेतलो. ह्यावेळार जागतीक मळावेल्या मुखेल कंपनीं कडेन संवाद सादलो आनी प्रशासन घटमूट करपाक, शिक्षण, भलायकी जतनाय आनी शेती सुदारपाक, आनी बेगीन, चड अचूक तपासणे वरवीं कायद्याची अंमलबजावणी वाडोवपाक उपाय सोदून Artificail intelligence चो कसो वापर करू येता ताची म्हायती मुखेलमंत्री सावंत हांणी घेतली. ह्यावेळार ह्या समीटात वाटो घेतील्ल्या गोंयांतल्या स्टार्टअपांक दालनाक मुखेलंत्र्यान भेट दीली. नवनिर्माण करप्यांक आदार दिवपाक आनी प्रगत तंत्रगिन्यान आमच्या राज्यांत हाडपाक गोंय सरकार कटिबद्ध आसा अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्रियिन म्हणला.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या विकसित भारत आनी आत्मनिर्भर भारताच्या दृश्टीकोनान मार्गदर्शन करून आमी स्वयंपूर्ण गोंय - एक आत्मनिर्भर, फुडाराक तयार राज्या खातीर काम करता अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

**60 AI समिट**

नवी दिल्लींत जाल्ले भारत एआय इम्पॅक्ट समिट-2026 मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आनी म्हायती तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांणी वाटो घेतलो.शाश्वत उदरगत करतना गौंयात एआयच्या तंत्रगिन्यानाचो समग्र पद्दतीन आत्मसात आनी उपेग करपाची मोख गोंय सरकारान दवरला अशे मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.जाल्यार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी बुधवारा AI समिटात वाटो घेतलो.ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान सेलेस्ता कॅपिटलाचे संस्थापक वेवस्थापकीय भागीदार श्रीराम

विश्वनाथन जी हांचे कडेन मेळ्ळे आनी संवाद सादलो. इतले मजगती ए आय शिखर परिशदेत मंत्री खंवटे हांणी गोंय पॅव्हेलियनचे उक्तावण केले. हातूंत राज्याच्या एआय उपक्रमांचे प्रदर्शन दाखयला. तशेच पाच स्टार्ट एपाची म्हायती मांडल्या उक्तावणाच्या सुवाळ्याक अधिकारी संजीव आहुजा डी आय टी ई अँड सी चे संचालक कबीर शिरगावकर आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

## कुशावती समिती

नव्यानूच स्थापन जाल्या कुशावती ह्या तिसऱ्या जिल्ह्यातले राना हक्क दावे निकालात काडपा खातीर सरकारान खासा समिती स्थापन केल्या. कुशावती जिल्ह्याच्यो जिल्होधिकारी एग्ना क्लेटस हांचे फुडारपणा खाला ही समिती स्थापन जाल्या. राना उपसंरक्षक, मोहन गावकार , अंजली वेळीप, राजश्री गावकार, आदिवासी कल्याण खात्याचे साहाय्यक संचालक हे समितीचे हेर वांगडी आसा.ग्रामसभा वा राना हक्क समितीक नेम 6 प्रमाण आवश्यक ती म्हायती दिवप. कायद्याचो हेत मतीत घेवन आदिवासी समाज आनी हेरांच्या दाव्यांचो विचार करप, हेर जिल्हो समितीकडेन समन्वय सादप अशो जापसालदाऱ्यो हे समितीक दिल्या. पुराय राज्यांत आता 6 हजारावेर राना हक्क दावे प्रलंबित आसा. ह्या दाव्यांची आता तीन जिल्ह्यात विभागणी जातली.

## 180 गोवा चेंबर

राज्यांतल्या एमएसएमई वाठारांतल्या उद्देगांक उर्बा दिवप तशेंच तांकां मार्गदर्शन करपा खातीर गोंय चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री वतीन एमएसएमई आधार स्तंभ विभागाची स्थापना जातली. ह्या विभागाचें उक्तावण ५ मार्चाक उद्देगमंत्री मॉविन गुदिन्हो हांचे हस्तुकीं जातलें. संघटणेची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हांणी बिरेस्तारा जाल्ले पत्रकार परिशदेत ही म्हायती दिली. ह्या वेळार मांगिरीश पै रायकार, आशुतोष खरंगटे आनी किरण बाळ्ळीकार हाजीर आशिल्ले. उद्देग मळार एमएसएमईचो वाटो व्हड

आसा. एमएसएमई अर्थवेवस्थाय चालीक लायता. ह्या मळावेल्या उद्देगांक मार्गदर्शन करप, तांका नव्या म्हायतीची पुरवण करप, सल्लो दिवप, तांक उदरगत अश्या खुबश्या कामां खातीर हो विभाग सुरू करतले.

हवामान -

गोंय वेदशाळेन दिल्ले म्हायती प्रमाण पणजे चडान चड तापमान ३१.६ डिग्री सेल्सियस आनी उण्यात उणे तापमान २२ डिग्री सेल्सियस इतले नोंद जाला. मुरगांवा चडान चड तापमान ३२.८ डिग्री सेल्सियस आनी उण्यात उणे तापमान २१.६ डिग्री सेल्सियस इतले नोंद जाला.

रणजी क्रिकेट -

रणजी क्रिकेट सर्तीत ११ वर्सा उपरांत कर्नाटक पंगडान निमण्या फेरीयेत पावल घाले. लखनौच्या भारतरत्न श्री अटलबिहारी वाजपेयी एकाना क्रिकेट स्टेडियमात जाल्ल्या दुसऱ्या सेमिफायनलीत कर्नाटक आनी उत्तराखंड पंगडामदलो खेळ पाचव्या आनी निमण्या दिसा बादाबाद जालो. पूण, कर्नाटकाक पयल्या डावात मेळील्ल्या व्हड आघाडेक लागून तांची निमणे फेरीयेतली सुवात निश्चित जाली. २४ फेब्रुवारीक निमण्या खेळात जम्मू काश्मिर पंगडा आड कर्नाटक पंगड खेळतलो.